**Revised**

# माननीय सभापतींचे समारोपाचे उलोवप

## ३१-१-२०१९

मानादिक सदस्य,

१. आता आमी ह्या अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाच्या निमण्या पावण्याचेर आसात. आता ह्या अधिवेशनाचो समारोप जाता. हें अधिवेशन, २९ जानेवारी २०१९, ह्या दिसा सुरू जाल्लें. एकूण ३ बैठको जाल्यो आनी तातून -५--वरां आनी २५ मिं.च्या कालावधीन सभागृहान महत्वाचे कामकाज जाले.

२. २९ जानेवारी २०१९, ह्या दिसा, मानादिक राज्यपालांच्या अभीभाषणांतल्यान, ह्या अधिवेशनाची सुरुवात जाली. त्या उपरांत मानादिक राज्यपालांच्या अभीभाषणांची प्रत सभाघराच्या पटलाचेर दवरली.

३. ह्या अधिवेशनाच्या काळान, १३७ तारांकित आनी २८२ अतारांकित अश्यो वट्ट एकूण ४१९ प्रश्नांखातीर सुचोवण्यो आयल्यो. तातून १२७ तारांकित प्रश्न स्वीकारले आनी १० तारांकित प्रश्नांक तोंडी जाप दिली. उरील्ल्या ११७ तारांकित आनी २८२ अतारांकित प्रश्नांच्यो जापो सभाघराच्या पटलाचेर दवरल्यो. ११ तारांकित आनी ६ अतारांकित प्रश्न फुडल्या अधिवेशनाखातीर फुडें धुकल्ले.

४. ह्या अधिवेशनान, ६२ शोक निर्देशक सुचना आनी १ अभिनंदनांचे प्रस्ताव, सभागृहान एकमतान संमत केले. ह्या भायर, सरकाराकडल्यान आयिल्लीं ९६ कागदपत्रां सभागृहा मुखार दवरली. ३ लक्षवेधी सुचना आनी ११ शुन्यकाळाचे उल्लेख, ह्या अधिवेशनान केले.

५. सभागृहान संमत केल्ल्या ११ विधेयकांक माननीय राज्यपालांनी संमती दिल्ल्याचे सभाघराच्या निर्दर्शनाक हाडले. ८ सरकारी विधेयकां सभाघरा मुखार मांडून, विचारांत घेवन सभागृहान संमत केली.

६. कामकाज सल्लागार समितीचो पयलो अहवाल (२०१९), Public Accounts आनी Public Undertakings, समितींचें अहवाल, सभाघरा मुखार मांडलें आनी तें संमत केलें.

७. अनुदानित पुरवण्यो मागण्यो २०१८-२०१९ (दुसरो गट) सभागृहामुखार मांडल्यो. तांचेर विचार विनिमय जावन, मतदानांक घालून, सभागृहान त्यो संमत केल्यो. ताच्या अनुषंगान गोंय विनियोग विधेयक, २०१९, मांडून, विचारांत घेवन, मतदानांक घालून, सभाघरान विधेयक संमत केले.

८. ३० जानेवारी २०१९, ह्या दिसा, २०१९-२०२० वर्सा खातीर गोंय राज्याचो अर्थसंकल्प, विधानसभेंत सादर जालो.

९. २०१९-२०२०, ह्या वर्साखातीर लेखानुदान सभागृहामुखार सादर करून, चर्चा जावन आनी मतदानाक घालून संमत केले. ताच्या अनुषंगान गोंय विनियोग विधेयक, (लेखानूदान) २०१९, मांडून, विचारांत घेवन, मतदानांक घालून, सभाघरान विधेयक संमत केले.

१०. हें अधिवेशन यशस्वी करपाखातीर सभागृहाचे भौमानेस्त मुखेलमंत्री श्री.मनोहर पर्रीकर, माननीय विरोधी पक्ष नेते श्री. चंद्रकांत कवळेकर, आनी माननीय उप-सभापती श्री. मायकल लोबो, हांचो खूब मोठो मोलाचो वाटो आशिल्लो म्हणून हांव तांकां धन्यवाद दिता. सगळे माननीय मंत्री, विंगड-विंगड पक्षांचे नेते, बाकीचे सगळे मानेस्त आमदार, सहकारी, हांचे सहकार्य खूब मोलाचे ठरले, हांव तांकां धन्यवाद दिता.

११. विधिमंडळाचे सचिव श्री. निळकंठ सुभेदार, अन्य अधिकारी आनी विधानसभा सचिवालयाचे सगळे कर्मचारी हांचेंय हांव आभार मानता. मुख्य सचिव आनी विविध खात्यांचे सचिव आनी तांचे सहकारी हांकांय हांव तांच्या सहकार्याखातीर धन्यवाद दिता.

१२. सुरक्षा जाय त्या प्रमाणान दवरून जाणी आमची काळजी घेतली त्या पोलिस महासंचालक आनी तांच्या सगळ्या सहकाऱ्यांचो हांव आभारी आसा. आमच्या गोंयची सगळी वर्तमानपत्रां आनी टी.वी चॅनला, दुरदर्शन, आकाशवाणी हांच्या प्रतिनिधिंनी आपलो वेळ खर्चून सगळ्या कामकाजाचे वृत्तांकन करून ते लोकांमेरेन पावयले, तांचोय हांगा विशेश उल्लेख करतां.

१३. आता आमी राष्ट्रगिता खातीर उबे रावूया.

१४. हांव आता सभागृह अनिश्चित काळाखातीर स्थगित करता.

*******